०४.०२.०२०२५ सकाळी ७.२५ वरां

आकाशवाणी पणजी

केबल ओपरेटरांनी लायटीच्या खाब्यांचेर बेकायदेशीरपणान हुमकळुन दवरील्ले केबल्स 10 दिसाभितर काडचे असो आदेश दिवपी परीपत्रक वीज खात्यान सोमारा जाहिर केला. दुरसंचार कायद्याप्रमाण अशे केबल्स वीज खाब्याचेर वा हेर सुवातीनी लावच्य पयली रितसर परवानगी घेवप सक्तीचे आसता, मात ह्या नेमांक फाट्यार मारुन केबल ओपरेटरांनी लायटीच्या खांब्याचेर वायरी अडकुन हुमकळुन दवरील्यान असुरक्षिततायचो प्रस्न उप्रासता अशे वीज खात्यान म्हणला. ह्यानफुडे उकत्या सुवातीचे आशिल्ले केबल्स वा वायरी कसल्यो कळपाखातीर खासा कलर कोडेड केबल्साचो उपेग करतले अशे वीज खात्यान काडील्या परीपत्रकात म्हणला. तशेंच बेकायदेशीरपणान केबल हुमकळोवपी केबल ओपरेटरांचेर ह्यानफुडे खर कारवाय जातली अशे ह्यावेळार वीज खात्यान कळीत केला.

महाराष्ट्र-गोंय शिमेलागसार दोडामार्ग हांगासारल्या कुडाशें प्रकल्पाचे दुरुस्ती काम पूराय जाळ्या उपरांत तिळारीचे उदक आयज सावन कसलेच आडखळी बगर कालव्यातल्यान सोडपाक सुरवात जाल्या. फाल्यांमेरेन बार्देश तालुक्याक तिळारीचे उदक मेळटले अशी आस्त आसा. पंधरा दिसा आदी मुखेल कालवो फुटीलल्यान बार्देश तालुक्याक उदकाचो उणाव जाल्लो.

रस्त्यार वा भौ शिक सुवातीन हेडगी गोरवा सोडपी धनयांक ह्यानफुडे दंड दितले तशेंच तांचेर खर कारवाय करतले. हे शिवाय गोरवाच्या धनयांनी जर गोरवा पोसपाक सरकारी येवजणेचो लाव घेतिल्लो आसत ,जाल्यार ती बंद करुन ,ताका येवजणेवरवी ह्यानपयली दिल्ले पयशे लेगीत फारीक करतले अशी शिटकावणी गोंय पशुसंवर्धन खात्याचे संचालक नितिन नायक हांणी दिल्या. हेडग्या गोरवा रस्त्यार सापडल्यार ताकां बिगर सरकारी संघटनेवतीन चलोवपी गोशाळेत धाडटले अशीय शिटकावणी तांणी दिल्या. गोरवा पोसल्या उपरांत कांय धनी ह्या गोरवा रस्त्यार बेजावबादरपणान सोडटात, हाका लागुन रस्त्याचेर अपघाताचे प्रमाण वाडला, तशेंच गोरवा लेगीत जखमी जातात ,गोरवा पोसता तांणी आपल्या गोरवांची कुयदात गंभीर्यान घेवप गरजेचे आसा अशे नितिन देसाय हांणी म्हणला.

गोंयांत रेल्वेची कामां करपाखातीर अंदू वर्साच्या केंद्रीय अदमास पत्रकात ४८२ कोटी रुपयांची तजवीज केल्या. नवी दिल्ली हांगासावन वर्चुअलरितीन घेतिल्ल्या पत्रकार परिशदेत रेल्वेमंत्री आश्वीनी वैष्णव हांणी ही म्हायती दिली. गोयांत रेल्वेच्या उदरगतीच्या कामाखातीर वट्ट ५ हजार ६९६ कोटी रुपयांची गुंतवणूक करतले अशीय म्हायती तांणी दिली. आयज घेतिल्ल्या पत्रकार परिशदेत गां ेंयासयत कर्नाटक, केरळ आनी तामिळनाडू ह्या चार राज्यांखातीर केल्ले तजवीजीची म्हायती दिली. कर्नाटकाखातीर ७ हजार ५६४ का ेटी, केरळ खातीर ३ हजार ४३२ कोटी, जाल्यार तामिळनाडूखातीर ६ हजार ६२६ कोटी रुपयांची

तजवीज केल्या अशें तांणी सांगलें. देशांत रेल्वेच्या नव्या प्रकल्पांखातीर वट्ट ४० हजार कोटी रुपयांची तजवीज केल्या अशी म्हायती तांणी दिली.

बायलां आनी भुरगी विकास खात्याकडे फाटल्या तीन वर्सां सावन सुमार 4,311 लाडली लक्ष्मीचे अर्ज प्रलंबीत आसात. सरकारान जून 2024 मेरेन प्रलंबीत आशिल्ले अर्ज निकालात काडपाचे उतर दिल्लें, पूण आतां मेरेन तीन लाखांची येणावळ आशिल्ल्या कुटुंबांच्या धुवांच्या लग्नाखातीर लाडली लक्ष्मी येवजण चालीक लयिल्ली. चलयेची पिराय अठरा वर्सां पुराय जातकच सरकार एक लाख रुपया चलयेच्या कुटुंबाक दिता. आदले मुख्यमंत्री मनोहर पर्रीकार हांणी 2012 वर्सा ही येवजण सुरू केली. धा वर्सां उपरांत 2022 वर्सा भाजपा सरकारान परतून हे येवजणेचे लाभार्थीच्या अटीत बदल केला हे येवजणेचो फायदो आठ लाखां सकयल वर्सुकी उत्पन्न आशिल्ल्या कुटुंबांक दिवपाचे थारायले. चलयो लग्न जावचे पयलीं हे येवजणे खातीर अर्ज करताल्यो. पूण 2022 वर्सा केल्ल्या बदला प्रमाण लग्न जाल्ल्या चलयांकच हे येवजणे खातीर अर्ज करपाक मेळटा. फाटल्या तीन वर्सांत 4,311 लग्न जाल्ल्या चलयांनी हे येवजणेचो फायदो मेळोवपा खातीर बायलां आनी बाल विकास खात्यांत अर्ज केला, हे येवजणेचे फायदे अजूनय प्रलंबीत आसात फाटल्या 2024 वर्साच्या पावसाळी अधिवेशना वेळार पावसाळी अधिवेशन सोंपचे पयलीं समितीची बसका घेवन लाडली लक्ष्मीचे मान्यताय मेळोवन दितलों अशी जाप हया खात्याच्या मंत्र्यान दिली

पर्यावरणाचे लुकसाण करी नासतना सौर उर्जेचो उपेग करुन शाश्वत पध्दतीन उर्जा निर्मिती जांवक शकता, ताचेखातीर वीज खात्यान तशेंच रिन्युवेबल एनर्जी खात्यान जोडपालवान काम करपाची गरज आसा. सध्या अमेरीक पयल्या नंबराचेर, जाल्यार चीन चड उर्जेचो उपेग करपी दुसऱ्या नंबरावेलो देश आसा, जाल्यार भारत तीसऱ्या नंबराचेर आसा, उर्जेची गरज वाजत आसा, ताका लागुन भारताक लेगीत फुडारात व्हडा प्रमाणात अमेरीका आनी चीना सारखी उर्जा लागतली.